**ज्येश्ठ नागरिक सन्मान येवजण- अर्ज करपाक मुजत वाड**

ता. 9 सप्टेंबर 2022

समाज कल्याण संचालनालयान ज्येश्ठ नागरिक सन्मान येवजणेखातीर अर्ज करपाची मुजत 15 सप्टेंबर 2022 मेरेन वाडयल्या. संचालनालयावतीन ता. 1 ऑक्टोबर 2022 दिसा संवसारीक ज्येश्ठ नागरिक दिसा राज्य पांवड्यावयल्या कार्यक्रमात राज्यांतल्या 14 नामनेच्या ज्येश्ठ नागरिकांचो सत्कार करपात येतलो. ल्हान तालुक्यातल्यान एक आनी व्हड तालुक्यातल्यान दोग ज्येश्ठ नागरिकांची सत्काराखातीर निवड करपात येतली.

इत्सुक 70 वर्सां पिरायेवयल्या नामनेच्या ज्येश्ठ नागरिकांनी विहित नमुन्यातले अर्ज आपली सविस्तर म्हायती आनी आवश्यक दाखले ( सॉफ्ट आनी हार्ड कॉपी/सीडी) आनी एका पासपोर्ट आकाराच्या फोटवासयत संचालक, समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी हांगा सुपुर्द करचे.

चड म्हायतीखातीर जिल्हा कल्याण अधिकारी (उत्तर) समाज कल्याण संचालनालय, पणजी वा जिल्हा कल्याण अधिकारी (दक्षीण), समाज कल्याण संचालनालय, माथानी साल्डाणा प्रशासकीय प्रकल्प, मडगाव, फोन. न. 0832-2232257, 2231225, 2223784 आनी 2794020 चेर संपर्क करचो वा socialwelfaregoa@rediffmail.com ह्या ई-मेलाचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/519

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji